**आयकर अधिनेम आनी नेमां खाला कळोवणी दिवपाच्या उद्देशान आधार दाखल करूंक संमती**

प्रति,
फांटो वेवस्थापक
एचडीएफसी बँक लिमिटेड, ________________________ फांटो.

मोगाळ महोदय/ महोदया,

विशयः **आयकर अधिनेम आनी नेमां खाला कळोवणी दिवपाच्या उद्देशान आधार दाखल करूंक.**

(1) म्हाका कळयलां की हांव आयकर अधिनेम आनी नेमां खाला कळोवणी दिवपाच्या उद्देशान, हांव भारत सरकारान जारी केल्लो म्हजो कायमस्वरुपी खातें क्रमांक (PAN) दाखल करूंक शकतां. पूण हांवें आपखोशेन म्हजो आधार नंबर (PAN च्या बदलाक), व्हर्च्युअल आयडी, ई-आधार, XML, मास्क्ड आधार, आधार तपशील, डॅमोग्राफीक माहिती, वळख माहिती, आधार नोंदणीकृत मोबायल नंबर, मुखामळ अभिप्रमाणन तपशील आनी/वा बायोमॅट्रीक माहिती (एकत्रीतपणान, "**माहिती**") दिल्या.

(2) म्हजी वळख, ऑफलायन पडताळणी वा ई-केव्हायसी वा हय/ना अभिप्रमाणन, डॅमोग्राफीक वा हेर अभिप्रमाणन/ पडताळणी/ लागू आशिल्ल्या कायद्या प्रमाणें वळख करून दिवंक, हांव बँकेक (आनी तांच्या सेवा पुरवणकर्त्यांक) अधिकृत करतां आनी म्हजी संमती दितां.

(3) वयल्या उद्देशां खातीर, हांव आपखोशेन आनी म्हजे स्वताचे विवेकबुद्धी प्रमाणें, भारत सरकारान जारी केल्लो म्हजो आधार क्रमांक (सकयल उल्लेख केला) एचडीएफसी बँकेक दितां आनी आपखोशेन म्हजो आधार क्रमांक आयकर अधिनेम आनी नेमां खाला, सगळ्या वर्तमान आनी फुडारांतले कळोवणी दिवपाच्या उद्देशा खातीर वापरूंक आनी UIDAI वरवीं अभिप्रमाणन करूंक, म्हजे आधार तपशील वापरपा खातीर संमती दितां.

| Aadhaar Number | : | | | | | | | | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|

**आधार क्रमांक**

(4) म्हाका संमती, आधार एकठांय करपाचो उद्देश आनी UIDAI (आधार तपशील) मार्फत अभिप्रमाणन करून, वांटणी करपाचे माहितीच्या स्वरुपा विशीं म्हाका थळावे भाशेंतल्यान स्पश्ट करून सांगलां. हांवें बँकेक दिल्ली म्हजी माहिती ही वयर उल्लेख केल्या वा कायद्याचे आवश्यकताये प्रमाणें, म्हजी माहिती कसल्याच कारणा वा उद्देशा खातीर वापरचे नात, अशें म्हाका समजायलां.

(5) एचडीएफसी बँकेन कळयलां की म्हजे बायोमॅट्रिक्स एकठांय/वांटणी करचे नात आनी; आधार तपशील हे सॅण्ट्रल आयडॅण्टिटीस डेटा रिपॉझिटरी (CIDR) त फकत वयर उल्लेख केल्ल्या उद्देशा खातीर अभिप्रमाणनाच्या उद्देशा खातीरूच दाखल करतले. एचडीएफसी बँकेन म्हाका कळयलां की, ही संमती आनी म्हजो आधार क्रमांक हो लागू आशिल्ल्या कायद्या प्रमाणें बँकेंत म्हज्या खात्याच्या तपशिला सयत सांठयतले.

(6) हांव हाचे वरवीं लागू आशिल्ल्या कायद्या खाला वा वयल्या उद्देशां खातीर वा एचडीएफसी बँकेचे आंतरीक आवश्यकताये प्रमाणें, हांव एचडीएफसी बँकेक माहिती आनी अभिप्रमाणन डेटा आनी रॅकॉर्ड एकठांय करूंक, उक्तावणी करूंक, वांटणी करूंक, सांठोवंक, जतन करूंक आनी वापरूंक अधिकृत करतां & संमती दितां.

(7) हांव हाचे वरवीं घोशीत करतां की हांवें आपखोशेन दिल्ली सगळी माहिती ही खरी, बरोबर आनी पुराय आसा. आधार नंबर मेळूंक ना वा म्हजे वतीन कसलीय चुकीची माहिती पुरवण जाल्या जाल्यार हांव एचडीएफसी बँकेक वा तिच्या खंयच्याय अधिकाऱ्याक जापसालदार धरचो ना.

तुमचे विश्वासू,

ग्राहकाचें नांव: ___________________________________

ग्राहकाची आयडी: ______________________________________

______________________

(आधार क्रमांक धारक जरी अल्पवयीन आसल्यार, आधार क्रमांक धारक/ आवय-बापूय वा पालकाची निशाणी वा आंगठ्याचो ठसो)